**उत्कृश्ट पर्यटन गांव आनी ग्रामीण होमस्टे सर्त**

पणजीः 18 डिसेंबर 2023

भारत सरकाराच्या पर्यटन मंत्रालया वतीन उत्कृश्ट पर्यटन गांव सर्त, 2024 ची 2री आवृत्ती आयोजीत . ग्रामीण अर्थवेवस्था उबारपा खातीर अतूट बांधिलकी आशिल्लें गांव सोदून काडप आनी पर्यटनाच्या माध्यमांतल्यान संस्कृती आनी सैमीक दायज सांबाळप हो हे सर्तीचो हेतू आसा. सामाजीक आनी साधनसुविधा उदरगतीक चालना दिवपाची उद्दिश्टां फुडें व्हरतना 'भारताच्या आत्म्याचो सन्मान करप' हाचेर भर दिता.

ते भायर, मंत्रालयान उत्कृश्ट ग्रामीण होमस्टे सर्त लेगीत सुरू केल्या जी ग्रामीण होमस्टे खातीर तांचे अद्वितीय पेशकश दाखोवपा सारकिल्ले काम करता, जे खातीर पर्यटकांक नवे आनी मनोरंजक निवास पर्यायांचो एक अणभव घेवंक मेळटलो.

सर्तीच्या 1ल्या आवृत्तींत काणकोण तालुक्यांतल्या खोतीगांव ह्या गांवाक उत्कृश्ट पर्यटन गांव, 2023 चो कांस्या श्रेणींत मान्यताय मेळ्ळ्या. दुसरी आवृत्ती मंत्रालयान पयलींच सुरू केल्या आनी दोनूय सर्तींत वांटो घेवपा खातीर ऑनलायन अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 31 डिसेंबर 2023 आसा.

पोर्टलाचेर www.rural.tourism.gov.in .

DIP/NB/PN/SF/SP/2023/2128

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.